Panaji Regional 15th June 2025 7.25am

श्रीपाद नायक

बस स्टेण्ड तशेंच रेल्वे स्टशनाचेर यो वच करपी प्रवाशांक नितळ आनी फुकट पिवपाचे उदक मेळचे ह्या हेतान water kiosk यंत्रणेचे खासदार आनी वीज खात्याचे राज्य मंत्री श्रीपाद नायक हांच्या हस्तुकी काल उक्तावण जाले. सुरववेक तीन यंत्रणा बसयल्या. हांतुन पणजे कदंबा बस स्टेण्ड, थिवी रेल्वे स्टेशन आनी मडगांव रेल्वे स्टेशनाचो आसपाव आसा.फुडारात आनीक 20 जाग्यांचेर असली यंत्रणा बसोवपाचो विचार आसा अशी म्हायती ह्यावेळार श्रीपाद नायक हांणी दील्या. उदक हे सैमीक स्तोत्रातल्यान मेळटा.ताका लागुन ताचो जपुन, नाशाडी करीनासतना उपेग जावचो. तशेंच प्लास्टीक बाटलेतले उदक पिल्या उपरांत त्यो बाटल्यो उडोवन जावपी कोयरांचो प्रस्न सुटावो करपाक ही यंत्रणा उपेगाची थारतली अशे नायक हांणी म्हणला.उदकाच्या सुविधेसयत अशा भौशीक सुवातीनी सौरउर्जेचो उपेग करून सुविधा दीवपाचोय आपलो यत्न आसतलो अशे तांणी ह्या वेळार म्हळा.

---------------------------------------------

मुखेलमंत्री

मुखेलमंत्री दोतोर प्रमोदा सावंत हांणी confederation of real estate developers association of india म्हणल्यारूच क्रेडाय ह्या बांधकाम क्षेत्रातल्या जाळवणदारा बरोबर पर्वरे मंत्रालयात बसका घेतली.

ह्या बसकेत बांधकाम केल्या उपरांत उरील्ल्या सुवातीनी झाडा लावन कुशीचो वाठार सैमीच सोबीतकायेन दवरप, तशेंच National Securities Depository Limitedच्या जोडपालवान बांधकाम क्षेत्रातल्याक योग्य प्रशिक्षण दीवन certified करप,बांधकाम कामगारांखातीर आशील्ल्या नीधीचो उपेग तांची भलायकी,रावपाक घर तशेच हेर समाजीक उपेगाखातीर वापरप, हे वीशी ह्या बसकेत चर्चा जाली.

बांधकाम क्षेत्रातल्या जाळवणदारांनी,पर्यावरण,रोजगार आनी समाज कल्याण ह्या उद्देशाक मतीन दवरून बांधकाम क्षेत्रात काम करचे अशे आवाहन ह्यावेळार

मुखेलमंत्र्यान क्रेडाय संघटनेच्या माध्यमातल्या बांधकाम मळावेल्या गोंयच्या जाळवणदारांक केला.

---------------------------------------------

I got karmayogi

गोंयातल्या सगल्या सरकारी कर्मचाऱ्यांक i got karmayogi ह्या platformer चेर नोंदणी करप राज्य सरकारान बंधनकारक केला. ह्या नोंदणेखातीर दील्ली मुजत आज सोपता.ह्या माचयेवरवी सरकारी कर्मचाऱ्यांक दर वर्सा उण्यात उणे तीन कोर्स आनी 6 वराचे प्रशिक्षण पुराय करप सक्तीचे आसा.ह्या प्रशीक्षणाची कर्मचाऱ्यांची वर्सुकी अप्रेसलात नोंद जातली.department of personal and goa institute of public administration वरवी संबंधीत प्रशीक्षण सरकारी शीरवीसकारांक दीतात.प्रशासकीय सेवा सुविधा लोकांक दीतना डीजीटल माध्यमाचो उपेग तशेंच कामकाजात सुटसुटीतपणा येवपाक कर्मचाऱ्यांक अपग्रेड करपाच्या हेतान गोंय सरकारान हे प्रशीक्षण तयार केला. काळा प्रमाण कर्मचाऱ्यांक नव्या तंत्रगीन्यान आनी यंत्रणेची म्हायती दीवन नागरीकांक सरकारी मळावेल्यान बरी सेवा मेळची हो i got karmayogi उपक्रमाचो मुळावो हेतु आसा.

---------------------------------------------

रान हक्क

रान हक्क कायदयाप्रमाणचे अर्जदारांचे दावे निकालात काडपाखातीर काल गोंयच्या 6 म्हालांनी खासा शिबीरा जांली. हांतुन केपे, सांगे, काणकोण, फोंणे, दारबांदोडा, तशेंच सत्तरी म्हालाचो आसपाव आसा. रान हक्क कायद्याप्रमाण सुमार 8 हजार दावे प्रलंबित आसा. जाल्यार सरकारान 19 डिसेंबर 2025 मेरेन हे सगळे दावे निकालात काडपाचे थारायल्या. हे फांटभुयेंर राज्य सरकारान अशे चड अर्जदार आशिल्लया म्हालांनी शिबीरा आयोजित केल्यात.गोंयांत सुमार साडे धा हजार अशे अर्जदार आशिल्ले.हातुतल्ले कांय दावे सराकरान निकालात काडल्या.जाल्यार काल घेतिल्लया खासा शिबिरात बऱ्याचश्या अर्जदारांनी वाटो घेतिल्लयाचे चित्र

ह्या म्हालात  पळोपाक मेळ्ळे. गरजेची  कागदपत्रा घेवन रितसर कायद्याच्य चौकटीत बसपी अर्जदारांच्या दाव्यांचेर  ह्यावेळार प्रक्रिया जाल्या.

इतलेमजगती सध्या उप -जिल्दोधिकारी कार्यालय पांवड्यार गोंयभरातल्यो 3970 अर्ज प्रलंबित आसात. हे दाव्याचो अभ्यास करुन ते निकालात काडपाखातीर  18 जुनाक खासा शिबीर  सरकार आयोजित करतले.हे शिवाय  आदिवासी भागात अशे दावे निकालात काडपाखातीर खासा ग्रामसभेचे आयोजन जातले अशे ह्यानपयली सराकरान कळीत केल्ले. ह्या शिबिरांचो चडान चड लांव जमनिच्यो सनदी मेळोवपाच्या नदरेतल्यान  गोंयच्या आदिवासी समाजाक जातलो.

---------------------------------------------

120 commentary on Goa land revenue code 1968

commentary on Goa land revenue code 1968 ह्या पुस्तकाचे प्रकाशन  गोंयचे एडवोकॅट जनरल देविदास पांगम हांच्या  हस्तुकी काल जाले. गोंयचे नामनेचे आदवागाद  हरीशचंद्र नायक हांणी बरयल्लया Goa land revenue code 1968 ह्या पुस्तकात जमनिविशींचे कायदे, अधिसुचोवणी , तशेंच  ह्या कायद्यात केल्लया नव्या तरतुदिंचो  ह्या पुस्तकात आसपाव आसा.

---------------------------------------------